राष्ट्रीय खबरो 12.07.2025 @ 8.40 am

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नव्यान भरती जाल्ल्या 51 हजारां वयर तरणाट्यांक नेमणूक पत्रां वांटतले.
- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा काल राती केरळच्या दोन दिसांच्या दौऱ्याखातीर तिरुअनंतपुरमात पावले.
- ऑपरेशन सिंदूरबद्दल चुकीची माहिती पसरयल्याबद्दल राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजित डोवाल हाणी परदेशी माध्यमांचेर टीका केल्या
- क्रिकेटांत आयज लंडनांतल्या लॉर्ड्सांत जावपी अँडरसन-टेंडुलकर ट्रॉफीच्या तिसऱ्या कसोटीच्या तिसऱ्या दिसा यजमान इंग्लंडा आड पयलो डाव 3 बाद १४५ धांवड्यचेर भारत परत सुरू करतलो

मोदी 90

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगां वरवी वेगवेगळ्या सरकारी खात्यांतल्या आनी संघटनांनी नव्यान भरती जाल्ल्या 51 हजारां वयर तरणाट्यांक नेमणूक पत्रां वांटतले. ही कार्यावळ सरकाराच्या चालू आशिल्ल्या रोजगर मेला उपक्रमांचो एक भाग. तशेंच ह्या कार्यावळी वेळार प्रधानमंत्री नव्यान भरती जाल्ल्या लोकां वांगडा उलयतले.

सोळावो रोजगर मेला देशभरांतल्या 47 सुवातींनी आयोजीत करतले. केंद्र सरकाराच्या मंत्रालयांनी आनी खात्यांनी ही भरती सुरू आसा. देशभरांतल्यान वेंचून काडिल्ले नवे कर्मचारी रेल्वे, गृह मंत्रालय, भलायकी आनी कुटुंब कल्याण, कामगार आनी रोजगार आनी टपाल खातें सयत हेर खात्यांत आनी मंत्रालयांनी सामील जातले. आतां मेरेन देशभरांत रोजगार मेला वरवीं दहा लाखां परस चड भरती पत्रां जारी केल्यांत.

शाह केरला 60

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा काल राती केरळच्या दोन दिसांच्या दौऱ्याखातीर तिरुअनंतपुरमात पावले. भाजपचे वरिष्ठ फुडारी आणि पक्षाच्या कार्यकर्त्यांनी विमानतळार त्यांचे स्वागत केले. आज राज्याच्या राजधानीत वेगवेगळ्या कार्यक्रमांक शाह उपस्थित रावतले. आज सकाळी ते भाजपच्या नवीन राज्य मुख्यालयाचे उक्तावण करतले उपरांत ते पुथरीकंदम मैदानार बूथ-स्तरीय पक्ष कार्यकर्त्यांच्या व्हड मेळाव्याक संबोधित करतले. दनपारा कन्नूरला तालीपरंबा हांगा राजराजेश्वर मंदिरात प्रार्थना करपाक ते वतले आणि सांजमेरेन दिल्लीक परतुपाची अपेक्षा आसा.

रेल 30

भरती प्रक्रिया पारदर्शक, कार्यक्षम आनी तंत्रज्ञान केंद्रीत करपा खातीर रेल्वे मंत्रालयान जायत्यो सुदारणा हातांत घेतल्यात. उमेदवारांक अनुकूल अशे जायते उपाय चालीक लायल्यात, तातूंत एक-वेळ नोंदणी (ओटीआर) पद्दत आसा जी भरती चक्रांत अर्ज प्रक्रिया सोपी करता.

वेंचणूक 40

बिहारांतल्या सुमार 7.90 कोटी मतदारांपैकी 74 टक्क्यां वयर मतदारांनी राज्यांतल्या वेंचणूक वळेरीच्या खाशेल्या सघन सुदारणा SIR च्या फाटल्या 17 दिसांनी आपले गणना अर्ज सादर केल्यात अशें वेंचणूक आयोगान सांगलां. तशेंच ह्या म्हयन्याचे 25 मेरेन अर्ज सादर करपाक मेळटले अशें आयोगान सांगलां.

डोवाल 130

हालीच्या ऑपरेशन सिंदूर वेळार भारतान पाकिस्तानातल्या नऊ दहशतवादी सुवातींचेर हल्लो केल्लो, शीमेकडे न्हय तर त्यांच्या अरुंद भूभागात. हे हल्ले इतले अचूक आशिल्ले की भारतीय सशस्त्र दळांक कोण खंय आसा हे खबर आशिल्ले आणि क्षेपणास्त्रां लक्ष्यांशिवाय हेर खंयच  धडकली ना.

राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजित डोवाल हाणी चेन्नईत आयआयटी मद्रासच्या ६२ व्या वर्सुकी दीक्षांत समारंभात उलयताना हे सांगले. त्यांनी ऑपरेशन सिंदूरबद्दल चुकीची माहिती पसरयल्याबद्दल परदेशी माध्यमांचेर टीका केली आणि तांका भारतीय वटेन जाल्या नुकसानाचे कसलेय विश्वसनीय पुरावे सादर करपाचे आव्हान दिले. २३ मिनिटांत अचूक हल्ले करून पाकिस्तान मदल्या एलईटी आणि हिजबुल मुजाहिदीन सयत दहशतवादी तळ उद्ध्वस्त केल्याबद्दल भारतीय सशस्त्र दलांचे कौतुक केले. डोवाल यांनी आंतरराष्ट्रीय माध्यमांच्या पक्षपाती कथनाचो निषेध केलो आणि राष्ट्रीय सुरक्षेच्या बाबींचेर जबाबदार, पुराव्याचेर आधारित वृत्तांकन करपाचे आवाहन केले.

अमरनाथ 140

या महिन्याच्या ३ तारखेक सुरू जाली वर्सुकी ३८ दिसांची श्री अमरनाथ जी यात्रा दक्षिण काश्मीरच्या अनंतनाग जिल्ह्यातल्या नुनवान पहलगाम बेस कॅम्प आणि मध्य काश्मीरच्या गंदरबल जिल्ह्यातल्या बालताल बेस कॅम्प या दोन मार्गांवेल्यान शांततेत आणि अखंड सुरू आसा. ही यात्रा ९ ऑगस्टक रक्षा बंधनाच्या निमित्तान सोपतली. अमरनाथ यात्रेकरूंची सुरक्षा वाडोवपाक, जम्मू-काश्मीर पोलिसांनी श्रीनगर-जम्मू राष्ट्रीय महामार्गार भू-कुंपण पाळत दवरप सुरू केला. या प्रगत पाळत दवरपाच्या प्रणालीचो उद्देश यात्रेकरूंच्या हालचालींचेर लक्ष दवरप,खंयचीय संशयास्पद हालचाली वळखप आणि संभाव्य धोक्याच्या बाबतीत जलद प्रतिसाद सुनिश्चित करप आसा. चालू यात्रेच्या ९ व्या दिसा काल सांज मेरेन एक लाख पासष्ट हजारांपरस चड यात्रेकरूंनी पवित्र गुहा मंदिरात शिवलिंगाचे दर्शन घेतले. देशभरातले यात्री पवित्र गुहेत दर्शना खातीर काश्मीराक आयिल्या बद्दल समाधान आणि आनंद व्यक्त करतात. काश्मीर प्रदेशातील सर्व प्रकारच्या व्यवस्था, सुविधा आणि सुरक्षित वातावरणा बद्दल ते समाधानी आहेत. या वर्सा सुरू आशिल्या श्री अमरनाथ जी यात्रेत व्हडा संख्येन यात्री सहभागी जावपाची अपेक्षा आसा.

DRDO 85

संरक्षण संशोधन आणि विकास संघटना (DRDO) आणि भारतीय हवाई दल (IAF) स्वदेशी बनावटीच्या अस्त्र क्षेपणास्त्राची उड्डाण चाचणी यशस्वीरित्या केली. ओडिशातल्या सुखोई-३० Mk-I प्लॅटफॉर्म वेल्यान या बियॉन्ड व्हिज्युअल रेंज एअर-टू-एअर क्षेपणास्त्राची उड्डाण चाचणी घेतली. संरक्षण मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण,  हाय-स्पीड मानवरहित हवाई लक्ष्यांचेर दोन प्रक्षेपण केली. संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह यांनी डीआरडीओ, आयएएफ आणि डिझाइन आणि विकासात सहभागी आशिल्या उद्योगांचे कौतुक केले. त्यांनी म्हणले की स्वदेशी बनावटीच्या अस्त्राची यशस्वी चाचणी हो गंभीर संरक्षण तंत्रज्ञानातलो एक महत्त्वाचो पावंडो. डीआरडीओचे अध्यक्ष डॉ. समीर व्ही कामत यांनी यशस्वी उड्डाण चाचणीत वांटेकार आशिल्याचे अभिनंदन केले.

55

इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्रालयान आयज नवी दिल्लींत क्वांटम सायबर रेडीनेसविशी श्वेतपत्रिका जाहीर केल्या. क्वांटम सुरक्ष आनी क्वांटम रेडिनेस तंत्रज्ञान सादर करपाक सोदपी मळावेल्या संघटनां खातीर ही श्वेतपत्रिका मार्गदर्शक आसा. वेगवेगळ्या मळार डिजिटल, कृत्रीम बुद्धिमत्ता आणि क्वांटम परिवर्तनातून वतना स्पश्टतायेन आनी वेगान आयसीटी मुळाव्या साधनसुविधां मदीं लवचीकपण उबारपाक सुरवात करप म्हत्वाचें अशें तांणी सांगलें  BYTE

शहा 90

गृहमंत्री अमित शहा हाणी नवी दिल्लीत यमुना पुनरुज्जीवना खातीर उच्चस्तरीय आढावो बसकेची येजमानकी चलयली. बसकेत उलयताना शाह हाणी म्हणले की, दिल्ली प्रदूषण नियंत्रण समिती, डीपीसीसीन जल प्रदूषण नियंत्रित करपाक कृती पद्धतीन काम करचे. त्यांनी यमुने खातीर सांड उदक प्रक्रिया प्रकल्प, एसटीपीची क्षमता २०२८ पर्यंत १५०० एमजीडी मेरेन वाडोवपाचे निर्देश दिले. गृहमंत्र्यांनी यमुनेत ई-प्रवाह वा डोवपाचेर  विशेष भर दिलो आणि या मुद्द्यार उत्तर प्रदेश सरकाराकडे उलोवपाची गरज आसा अशे म्हणले.

हरियाणा, दिल्ली आणि उत्तर प्रदेश या तिन्ही राज्यांनी यमुनेच्या पुनरुज्जीवना खातीर प्रयत्न कर चे आणि  व्हावपी उदकाच्या चाचणीत नियमितता आणि पारदर्शकता आसची अशे म्हळे.

रिझवी 80

देशात दुर्मिळ पृथ्वी चुंबकांच्या उत्पादनाक चालना दिवपाक सरकार १,३४५ कोटी रुपयांची अनुदान योजना सुरू करपाची योजना आखता. या संदर्भात आंतर-मंत्रालयीन सल्लामसलत सुरू आसा. अवजड उद्योग मंत्रालयाचे सचिव कामरान रिझवी यांनी नवी दिल्लीत एका कार्यक्रमा वेळार ही माहिती दिली.  ही योजना दुर्मिळ पृथ्वी ऑक्साईडचे चुंबकांत रूपांतर करपाक एंड-टू-एंड समर्थन प्रदान करतली. या अनुदानाक लागुन कंपन्यांक दुर्मिळ पृथ्वी ऑक्साईडचे चुंबकांत रूपांतर करपाची प्रक्रिया सुविधा स्थापन करपाक गुंतवणूक सुलभ जातली. चीनान दुर्मिळ पृथ्वी चुंबकांच्या निर्यातीर निर्बंध घाल्यान जागतिक पुरवणीचेर परिणाम जाला आणि ताचो परिणाम ईव्ही उत्पादकांचेर जाला

CSC 110

कॉमन सर्विसेस सेंटर CSC 16 जुलयाक नवी दिल्लींतल्या यशोभूमी कन्व्हेन्शन केंद्रांत आपलो सोळावो स्थापणूक दीस मनयतले. देशांत डिजिटल सशक्तीकरणाक 16 वर्सां पुराय जाता. सरकाराच्या डिजिटल इंडिया कार्यावळी खाला कॉमन सर्व्हिसेस सेंटर्स हो एक मुखेल उपक्रम. वर्सां भितर, सीएससी संवसारांतल्या सगळ्यांत व्हडल्या डिजिटल सेवा वितरण नेटवर्कांतलें एक जालां, जें गांवगिऱ्या आनी शारी दोनूय वाठारांनी 6.5 लाखां वयर कार्यात्मक केंद्रां वरवीं काम करता.

ह्या कार्यावळीचें उक्तावण गृहमंत्री अमित शाह करतले. हे वेळार इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव आनी राज्यमंत्री जितिन प्रसादय हाजीर आसतले.

ह्या कार्यावळींत CSC चो फुडारातलो रोडमॅप दाखयतले, जो खोलायेन प्रवेश, सेवा विस्तार आनी तंत्रज्ञानाच्या फुडारपणा खाला नवनिर्माणाचेर लक्ष केंद्रीत करता. ह्या नव्या टप्प्यांत एआय आदारीत सेवा, क्लाउड सोल्यूशन्स आनी डिजिटल सक्षम उदरनिर्वाहाचे एकत्रीकरण आसपावीत करतले

फ्लाइट 75

एअर इंडियाच्या विमान एआय १७१ त बोईंग 787-8 विमानांचो अपघात जालो. उपरांत काय सेकंदां भितर विमानाचे इंजिन इंधन नियंत्रण 'रन' वयल्यान 'कटऑफ' स्थितीत गेले आणि बंद जाल्ल्यान विमान अपघात जालो अशें एएआयबीन आपल्या अहवालांत म्हणला. सुरवातीच्या चवकशी अहवाला प्रमाण कॉकपिटाच्या व्हॉयस रेकॉर्डराचेर एक पायलट इंधन कित्याक कापलें अशें विचारता अशें आयकूंक मेळटा, ताचेर दुसऱ्या पायलटान इंधन कापले ना अशी जाप दिली. उपरांत इंधन नियंत्रण स्वीच सुरू केलो पूण एका इंजिनांतली उणी जावपी गती आडावंक मेळ्ळी ना अशें एएआयबीन सांगलें.

क्रिकेट 40

क्रिकेटांत आयज लंडनांतल्या लॉर्ड्सांत जावपी अँडरसन-टेंडुलकर ट्रॉफीच्या तिसऱ्या कसोटीच्या तिसऱ्या दिसा यजमान इंग्लंडा आड पयलो डाव 3 बाद १४५ धांवड्यचेर भारत परत सुरू करतलो. मॅच दनपारा 3:30 क सुरू जातली. इंग्लंडाचो पयलो डाव 387 धांवड्यांर सोंपतकच सध्या भारत 242 धांवड्यांनी फाटीं आसा.

Wimbldon 20

विंबल्डन टेनिसांत आयज रातीं लंडनांतल्या सेंटर कोर्टाचेर बायलांच्या एकोडी सर्ती खातीर पांच फावटीं ग्रॅण्ड स्लॅम विजेती इगा स्वाटेक 13वे सुवातेर आशिल्ली अमांडा अनिसिमोवा आड झुजतली.

IMD 80

भारतीय हवामान खात्यान फुडले 4 ते 5 दीस देशाच्या मध्य आनी लागसारच्या वायव्य वाठारांनी व्हड ते खूब व्हड पावस पडपाचो अदमास काडला.

आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण आयज उदेंत राजस्थान आनी मध्य प्रदेशांतल्या काय सुवातीनी पावस पडपाची शक्यताय आसा. आसाम, मेघालय, छत्तीसगड, दर्यादेग कर्नाटक, गुजरात, हिमाचल प्रदेश, केरळ, माहे, उत्तर प्रदेश, उत्तराखंड आनी अस्तंत राजस्थान ह्या वाठारांनी आयज काय सुवातीनी पावस पडपाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान सांगलां. मजगतीं, आंध्र प्रदेश, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांगा काय सुवातींनी उश्ण आनी दमट हवामानाची स्थिती आसू येता